TRANSLATED COPY

(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)

प्रकाशन योग्य

भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयांत

फौजदारी मूळ अधिकारक्षेत्र

स्वेच्छा दखल रीट याचिका (फौ.) क्र. 2/2020

एन. आय. अधिनेम 1881 चें कलम 138 खाला

प्रकरणांची जलद न्यायचवकशी : ह्या प्रकरणांत

आदेश

1. तारीख 27.01.2005 च्या रू. 1,70,000/- रकमेचे दोन धनादेश न्हयकारिल्ल्या संबंदी 2016 ची क्र. 5464 ची खास अनुमती याचिका (फौजदारी). फाटल्या 16 वर्सां सावन हो वाद प्रलंबीत आसा. विनिमय संलेख अधिनेम (ह्यान फुडें 'अधिनेम') हाचें कलम 138 खाला व्हडा संख्येन दाखल जाल्ल्या वेग-वेगळया पातळयांचेर प्रलंबीत आशिल्ल्या प्रकरणां संदर्भांत, ह्या न्यायालयाच्या खंडपिठान, जातूंत आमचो दोगांचो (भारताचे मुख्य न्यायाधीश आनी एल. नागेश्वर राव, जे.) आसपाव आसा, ह्या प्रकरणांच्या विनियोजनांत जाल्ल्या कळावाच्या कारणांची चवकशी करपाचो निर्णय घेतलो. नोंदणी शाखेक "एन. आय. अधिनेम 1881 चें कलम 138 खाला प्रकरणांची जलद सुनावणी", ह्या माथाळ्या खाला स्वेच्छा रीट याचिका (फौजदारी) नोंद करपाचो निर्देश दिल्लो. विद्वान वरिश्ठ वकील श्री. सिद्धार्थ लुथरा हांकां एमिकस क्युरी (न्यायमित्र) म्हणून नियुक्त केल्ले आनी विद्वान वकील श्री. के. परमेश्वर हांकां तांची मदत करपाक विनवणी केल्ली. केंद्र सरकार, उच्च न्यायालयाचे महाप्रबंधक, राज्य आनी केंद्रशासीत प्रदेशांचे पुलीस म्हासंचालक, राष्ट्रीय विधी सेवा प्राधिकरणाचे वांगडी सचीव, बँकींग संस्थांचे प्रतिनिधी म्हणून रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया आनी भारतीय बँक संघ, मुंबई हांकां नोटीस जारी केल्ली.

2. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी 11.10.2020 ह्या दिसा एक प्राथमीक रिपोर्ट सादर केल्लो, जो सगळ्या प्रतिवाद्यां मदीं प्रसारीत केल्लो. तारीख 19.01.2021 दिसा विद्वान एमिकस क्युरी हांणी ह्या न्यायालयाक माहिती दिली की, 25 मदल्या फकत 14 उच्च न्यायालयांनी प्राथमीक अहवालाक तांचे प्रतिसाद सादर केल्ले. रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियान सुद्धा आपले प्रस्ताव दाखल केल्ले. सात पुलीस म्हासंचालकांनी आपलीं प्रतिज्ञापत्रां दाखल केल्लीं जातूंत तांणी प्राथमीक अहवालाच्या संदर्भांत आपलीं मतां मांडिल्लीं. ज्या पक्षांनी आपले प्रतिसाद सादर करूंक ना तांकां मुजत वाडोवन दिल्ली आनी ह्या खटल्याचो अंतिम निर्णय 24.02.2021 तारखेक घेवपाचो थारायल्लें. सुनावणेच्या वेळार भारताचे मुख्य न्यायाधीश, एल. नागेश्वरा राव, न्या. आनी एस. रविंद्र भट, न्या. हांचो आसपाव आशिल्ल्या तीन न्यायमुर्तींच्या खंडपिठाक अशें दिसलें की, ह्या न्यायालया मुखार निर्धारीत करपा खातीर उप्राशिल्ले म्हत्वाचे मुद्दे लक्षांत घेवन ह्या प्रकरणांचो विचार वयल्या खंडपिठान करप गरजेचें आसा. ह्या न्यायालयाच्या कांय न्यायीक अधिघोशणांचें स्पश्टीकरण करप गरजेचें आसा अशें विद्वान एमिकस क्युरी हांणी सादर केल्ल्यान हें प्रकरण पसून वयल्या खंडपिठा कडेन धाडप गरजेचें आसलें. आमी, विद्वान एमिकस क्युरी, कांय राज्यांचे वकील, भारताचे विद्वान सॉलिसिटर जनरल श्री. विक्रमजीत बॅनर्जी, भारताचे विद्वान अतिरिक्त सॉलिसिटर जनरल श्री. रमेश बाबू, रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियाचे वकील आनी इंडियन बँक्स असोसिएशनाचे वकील डॉ. ललीत भसीन हांचें म्हणणें आयकून घेतलां.

3. कलम 138 ते 142 हांचो आसपाव आशिल्लो अध्याय XVII, जो ह्या अधिनेमांत आस्पावीत आसा, तो तारीख 01.04.1989 दिसा अंमलांत आयलो. कलम 138 च्या प्रमाणें अपर्याप्त रकमेक लागून न्हयकारिल्ल्या धनादेशांच्या प्रकरणांत, एका वर्साच्या कालावधी खातीर बंदखणीची ख्यास्त वा दंड, जो धनादेशाच्या दुप्पट रकमे मेरेन वाडोवपाक शकता अशा ख्यास्तींची तरतूद केल्ली. कलम 139 हातूंत अशें नमूद केलां की, प्राप्त धनादेश खंयच्याय रिणाची वा हेर दायित्वांची पुराय तरेन वा अर्धस्वरुपांत परतफेड करपा खातीर आसा, अशें धारकाच्या हितान गृहीत धरिल्लें आसा. अधिनेमाच्या कलम 138 खाला खटल्यांत जो बचाव मान्य जावंक शकलो ना तो कलम 140 खाला शासीत केल्लो आसा. कलम 141 कंम्पनींनी केल्ल्या गुन्यांवां संबंदान आसा. अधिनेमाच्या कलम 138 खाला ज्या गुन्यांवांची दखल घेवपाक मेळटा त्या संबंदीच्यो अटी कलम 142 हातूंत दिल्ल्यो आसात. ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल जाल्ल्यो कागाळी, जांचो निकाल फावोश्या कालावधींत जावपाक शकलो ना आनी ज्यो खूब वर्सां सावन प्रलंबीत आसात अशा कागाळींची न्यायालयांत वर्सानवर्स भर पडिल्ली आसा.

4. अधिनेमाच्या कलम 138 खाला खूब मोट्या प्रमाणांत प्रलंबीत उरिल्ल्या ह्या कागाळींचो हेर फौजदारी प्रकरणांच्या निकालांचेर विपरीत परिणाम जाला. हे परिस्थितीचेर उपाय योजना काडपाची तात्काळ गरज आसली, जी विनिमय संलेख अधिनेम (सुदारणां आनी

किरकोळ तरतुदी) 2002 हाच्या तर्फे निपटायल्ली. ह्या अधिनेमांत कलम 143 ते 147 हांचो आसपाव केल्लो, जो तारीख 06.02.2003 दिसा अंमलांत आयलो. फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 (ह्या फुडें 'संहिता') हातूंत किदेंय अंतर्भूत आसलें तरी, ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 हें न्यायालयांत ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींचेर संक्षिप्त पद्दतीन खटलो चलोवपाचो अधिकार प्रदान करता. कलम 143 चें उपकलम (3) हें विहीत करता की, तक्रार दाखल जाल्ल्या दिसा सावन स म्हयन्यां भितर खटलो पूर्ण करपाचो यत्न करूंक जाय. कलम 144 समन्स कशे पद्दतीन धाडप हे विशीं आसा. कलम 145 अशें मानता की, कागाळदारान प्रतिज्ञापत्राचेर दिल्लो पुरावो हे संहितेच्या खाला कसलीय चवकशी, खटलो वा हेर कारवायेन पुरावो म्हणून वाच्चो. कलम 146 हाचे प्रमाणें, धनादेश न्हयकारिल्लो आसा हें दाखोवपी बँकेची स्लीप वा मॅमो हो धनादेश न्हयकारिल्लो आसा हे वस्तुस्थितीचो प्रथमदर्शनी पुरावो मानचो. कलम 147 हाच्या प्रमाणें ह्या अधिनेमाच्या खाला दंडनीय गुन्यांव हे आपसांत मिटोवपा योग्य गुन्यांव आसात. ह्या अधिनेमा खाला विहीत केल्ली ख्यास्त एक वर्सा वयल्यान वाडोवन दोन वर्सां इतली केल्या, तशेंच कलम 138 ते 142 हातूंत केल्ल्यो हेर सुदारणां, ह्या गजालींचो ह्या प्रकरणा कडेन कांयच संबंद ना.

5. ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या आनी व्हडा प्रमाणांत प्रलंबीत आशिल्ल्या कागाळीं संबंदान न्यायालयाची सतत तडजोड चालू आशिल्ल्यान परिस्थिती सुदारिल्ली ना. विद्वान एमिकस क्युरीन प्रस्तूत केल्ल्या प्राथमीक अहवाला वयल्यान अशें दिसता की, तारीख 31.12.2019 मेरेन वट्ट 2.31 कोटी फौजदारी खटले प्रलंबीत आसात, जातूंतले 35.16 लाख खटले ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 संबंदान आसात. विद्वान एमिकस क्युरी हांच्या मता प्रमाणें, खटले सांठोवन उरपाचें कारण अशें आसा की, जंय दर वर्सा कागाळी दाखल करपाचें प्रमाण सातत्यान वाडत आसा, थंय कागाळींचो निकाल लागपाचें प्रमाण दाखल जाल्ल्या कागाळींच्या प्रमाणा कडेन जुळना. ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींचो निकाल लागपाक ज्या कारणां खातीर उशीर जाता तांचे संबंदान आमी ह्या आदेशांत विचार करुया.

6. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी राज्य सरकार आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी दाखल केल्ले जापेंतल्यान जे सात मुख्य मुद्दे मांडल्यात, ते सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात :

क. समन्स जारी करप

ख. संहितेच्या कलम 219 हातूंत वैधानीक सुदारणां

ग. समरी ट्रायल

घ. बँक खातीं जप्त करप

ङ. संहितेचें कलम 202 लागू करप

च. मध्यस्थी

छ. दंडाधिकाऱ्याचें अंगभूत अधिकारक्षेत्र

7. ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींतल्या आरोप्यांक समन्स धाडपाची पद्दत हें कागाळींचो निकाल लागपाक कळाव जावपा फाटलें एक मुखेल कारण आसा. विवीध राज्य सरकार आनी केंद्रशासीत प्रदेश हांचो प्रतिसाद तपासल्या उपरांत विद्वान एमिकस क्युरी हांणी समन्स जारी करपाच्या पद्दतींत सुदारणां करपा खातीर साबार सुचोवण्यो दिल्यात. तांणी दिल्ल्यो कांय सुचोवण्यो ह्या अधिनेमाच्या कलम 146 खाला बँकेन दिल्ल्या धनादेश न्हयकारिल्ल्या स्लिपी संबंदीत आसा. जशें की, बँकेन धनादेशाच्या आदेशकाचो सद्याचो मोबायल क्रमांक, ईमेल आयडी आनी पोस्टल नामो जाहीर करप, धनादेशाच्या फाटल्या पानाचेर दिल्लें आदेशकाचें विवरण जाहीर करप, समन्स जारी करपाच्या इलॅक्ट्रॉनीक पद्दती खातीर नोडल एजन्सी तयार करप आनी न्हयकारिल्ल्या मॅमोंतल्यान युनीक नंबर तयार करप. केंद्र सरकार आनी रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया हांकां विद्वान एमिकस क्युरी हांणी हे बाबतींत दिल्ल्या सुचोवण्यांचेर तांचे प्रतिसाद प्रस्तूत करपाचो निर्देश दिल्लो. तारीख 10.03.2021 दिसा भारताचे विद्वान सॉलिसिटर जनरल आनी रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियाचे विद्वान वकील श्री. रमेश बाबू हांचें म्हणणें आयकून घेतल्या उपरांत, ह्या न्यायालयाक अशें योग्य दिसलें की, न्याया खातीर प्रलंबीत खटले अतिप्रमाणांत सांठोवन उरचे न्हय म्हणून दिल्ल्या विवीध सुचोवण्यांचेर विचार करपा खातीर मुंबई उच्च न्यायालयाचे आदले न्यायमुर्ती माननीय श्री. आर. सी. चव्हाण हांचे अध्यक्षते खाला एके समितीची स्थापना करची.

वयर नमूद केल्ली समिती, धनादेशाचे रकमेचे मर्यादे मेरेन बँक खातीं जप्त करप, समन्स जारी करपा पयलींची मध्यस्थी आनी हेर सगळे मुद्दे जे प्राथमीक टिप्पणेचो भाग आसात आनी ह्या संबंदान विद्वान एमिकस क्युरी हांणी केल्लीं निवेदनां हांचेर, हेर संबंदीत मुद्दे जे अशा विचारांच्या वेळार उप्रासपाक शकतात तांचे वांगडा, विचार करतली. ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल जाल्ल्यो कागाळी चलोवपा खातीर अतिरिक्त न्यायालयांची निर्मिती करपाची गरज हाचेर विचार करपाचो निर्देश समितीक दिला.

## <u>समरी ट्रायलाचें समन्स ट्रायलांत यांत्रीक रुपांतरण</u>

8. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी निवेदन केलां की, ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 हातूंत अशी तरतूद आसा की, संहितेचें कलम 262 ते 265 ह्या अधिनेमाच्या अध्याय XVII हाच्या खाला सगळे गुन्यांव चलोवपा खातीर लागू जातलें. दुसरें परंतूक दंडाधिकाऱ्याक, जरी ताच्या मता प्रमाणें, कारणांची नोंद केल्या उपरांत, एका वर्सा परस चड कारावासाची ख्यास्त दिवपाची आसली वा समरी ट्रायलांत खटलो चलोवप अनुचीत आसा अशें ताचें मत जालें जाल्यार, समरी ट्रायलाचें रुपांतर समन्स ट्रायलांत करपाचो अधिकार प्रदान करता. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी ह्या न्यायालयाच्या लक्षांत हाडलें की, समरी ट्रायल नियमीतपणान यांत्रीक पद्दतीन समन्स ट्रायलांत रुपांतरीत जातात. तांचे प्राथमीक टिप्पणेंत तांणी दिल्ले सुचोवणे प्रमाणें, समरी ट्रायलाचें रुपांतर समन्स ट्रायलांत करपाचे पयलीं ठोस

आनी पर्याप्त कारणांची नोंद करपा खातीर उच्च न्यायालयांनी न्यायचवकशी न्यायालयाक कोर्टाक कारवायेचे निर्देश दिवचे, जे उच्च न्यायालयान मान्य केल्यात.

9. ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल जाल्ल्या कागाळींचो बेगोबेग निकाल लावपा खातीर 2002 वर्सा ह्या अधिनेमांत कलम 143 चो आसपाव जाल्लो. हे स्थितींत, समरी ट्रायला कडेन संबंदीत आशिल्ले संहितेच्या अध्याय XXI चो संदर्भ घेवपाची गरज आसा. ज्या खटल्यांत आरोपी गुन्यांव स्विकारिना, अशे संक्षिप्त पद्दतीन चलयल्ल्या खटल्यांत दंडाधिकाऱ्यान पुराव्यांचो सार नोंद करप आनी ताच्या निश्कर्शांच्या कारणांचें थोडे भितर निवेदन आशिल्लो निकाल दिवप, हें पर्याप्त आसा. कलम 262 खालाची समरी ट्रायलाची प्रक्रिया खंयच्याच तीन म्हयन्यां परस चड कारावासाचे ख्यास्ती खातीर लागू करपाक मेळचीना असो निर्बंध आसा. संहितेंत किदेंय अंतर्भूत आसलें तरी, ह्या अधिनेमाच्या अध्याय XVII हाच्या खाला गुन्यांवांच्या खटल्या खातीर संहितेचें कलम 262 ते 265 “शक्य तितलें” लागू केल्लें आसा. हें फकत अशे स्थितींत आसता जेन्ना दंडाधिकारी हांच्या मता प्रमाणें आरोपीक एका वर्सा परस चड कालावधी खातीर ख्यास्त दिवप गरजेचें आसपाक शकता, जंय ही तक्रार समन्स ट्रायल म्हणून चलतली. विवीध उच्च न्यायालयां कडल्यान आयिल्ल्या प्रतिसादांतल्यान हें स्पश्ट थारता की, ट्रायल कोर्टांनी कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींचें समरी ट्रायलांतल्यान समन्स ट्रायलांत केल्लें रुपांतरण हें कसल्याच कारणांची नोंद करिनासतना यांत्रीकपणान केल्लें आसा. अशा प्रकारान कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींचें समरी ट्रायलांतल्यान समन्स ट्रायलांत जाल्ल्या रुपांतरा खातीर खटल्यांचो निकाल लागपाक कळाव जाता. मुखार, कलम 143 हातुंतलें दुसरें परंतूक दंडाधिकाऱ्याक अशा रुपांतरणांचीं कारणां सांगपी आदेश नोंद करपाक बंधनकारक थारायता. ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 हाचो उद्देश असो आसा की, संहितेच्या खाला समरी ट्रायला खातीर विहीत केल्ले प्रक्रियेचें शक्य तितल्या प्रमाणांत पालन करून कलम 138 खाला दाखल कागाळींचो बेगोबेग निकाल लावचो. कलम 143 हाच्या दुसऱ्या परंतुकाच्या खाला दंडाधिकाऱ्याक प्रदान केल्ले स्वेच्छाधिकार हे योग्य जतनाय आनी सावधानी बाळगून, कागाळी समरी ट्रायलांतल्यान समन्स ट्रायलांत रुपांतरीत करपाचीं कारणां नोंद करून घेतल्या उपरांत वापरूंक जाय. ना जाल्यार, ह्या अधिनेमांत कलम 143 हाचो आसपाव ज्या हेतू खातीर केल्लो तो निश्फळ थारतलो. आमी उच्च न्यायालयां कडेन विचार-विमर्श करून विद्वान एमिकस क्युरी हांणी केल्ल्यो सुचोवण्यो स्विकार करतात. उच्च न्यायालय दंडाधिकाऱ्यांक, तांणी ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 हातुंतल्या दुसऱ्या परंतुकाच्या खाला अधिकाराचो वापर करून कलम 138 खाला दाखल कागाळींच्या खटल्यांचें समरी ट्रायलांतल्यान समन्स ट्रायलांत रुपांतर करचे पयलीं कारणां नोंद करचीं, अशे कारवायेचे निर्देश दिवपाक शकता.

<u>संहितेचें कलम 202 च्या खाला ह्या अधिनेमाच्या कलम 145 संबंदीत चवकशी</u>

10. प्रक्रियेचे मुद्दे उचीत थारावपाक फावोशे आदार तयार केल्यात काय ना, हाची चवकशी करपाच्या उद्देशान संहितेचें कलम 202 दंडाधिकाऱ्याक अधिकारक्षेत्र प्रदान करता. 2005

चो अधिनेम 25 हाच्या खाला, तारीख 23.06.2006 सावन संहितेचें कलम 202 हातूंत केल्ली सुदारणां, जंय आरोपी न्यायालयाच्या अधिकारक्षेत्राच्या भायर रावता अशा प्रकरणांत दंडाधिकाऱ्यान आदेशिका काडचे पयलीं चवकशी करप अनिवार्य थारायता. (पळोवचें: **विजय धानुका आनी हेर वि. नजीमा ममताज आनी हेर**[1], **अभिजित पवार वि. हेमंत मधुकर निंबाळकर आनी हेर**[2] आनी **बिर्ला कॉर्पोरेशन लिमिटेड वि. एडव्हेंट्स इन्व्हेस्टमॅण्ट्स ऍण्ड होल्डिंग्स लिमिटेड आनी हेर**[3]). ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 हाचे खाला दाखल केल्ल्या कागाळीं संदर्भांत कलम 202 लागू करपा संबंदान उच्च न्यायालयां मदीं मतभेद निर्माण जाल्ले आसात. संहितेचें कलम 202 हातूंत केल्ले तरतुदी प्रमाणें, कलम 138 खाला दाखल कागाळीं संबंदान आदेशिका काडचे पयलीं दंडाधिकाऱ्यान चवकशी करप बंधनकारक आसा, ह्या मता प्रमाणें उच्च न्यायालयान कलम 138 खाला दाखल कांय प्रकरणांचो निकाल दिला. हेर कांय प्रकरणांनी उलट मतां व्यक्त केल्लीं आसात. अशें गृहीत धरलां की, फकत आरोपी न्यायालयाच्या अधिकारक्षेत्राच्या भायर रावता म्हणून दंडाधिकाऱ्यान प्रत्येक प्रकरणांत आदेशिका काडपाची प्रक्रिया मुखार व्हरपाची गरज ना. मुखार अशें पसून गृहीत धरलां की, जर रेकॉर्डार उपलब्ध आशिल्ल्या मजकुरांतल्यान आवश्यक समाधान मेळपाक शकता जाल्यार, संहितेच्या कलम 202 खाला चवकशी करूंक ना जाल्यार आदेशिका काडपाचे प्रक्रियेंत अडचण येवची ना.

11. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी ह्या न्यायालयाच्या **के. एस. जोसेफ विरुद्ध फिलिप्स कार्बन ब्लॅक लिमिटेड आनी हेर**[4] मदल्या न्यायनिर्णयाचो संदर्भ दिल्लो, जातूंत कलम 138 खाला दाखल जाल्ल्या कागाळींच्या संदर्भांत संहितेचें कलम 202 खाला चवकशेची गरज हाचेर चर्चा जाली, पूण विधी विशयक मुद्दो थंयच उरलो. ह्या न्यायालयाच्या, विजय धनुका (वयर उल्लेखीत), अभिजीत पवार (वयर उल्लेखीत) आनी बिर्ला कॉर्पोरेशन (वयर उल्लेखीत), ह्या प्रकरणांचे न्यायनिर्णय लक्षांत घेवन, न्यायालयाच्या अधिकारक्षेत्रा भायर रावपी आरोपींक समन्स धाडचे पयलीं दंडाधिकाऱ्याचे वतीन जावपी चवकशी थांबोवंक मेळची ना. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी सुचयलें की, दंडाधिकाऱ्यान चवकशी केल्या उपरांत असो निष्कर्ष काडचो की, आरोपी आड कारवाय करपा खातीर फावोशीं कारणां आसात. आमी विद्वान एमिकस क्युरी हांचे कडेन सहमत आसा.

12. आमचे नदरेक आयिल्लो आनीक एक मुद्दो असो आसा, जो कलम 202(2) च्या स्पश्टीकरणा कडेन संबंदीत आसा, जातूंत अशें नमूद केलां की, आदेशिका काडपा खातीर कलम 202(1) खाला केल्ले चवकशेंत दंडाधिकारी साक्षिदाराचो पुरावो सोपुताचेर घेतलो. संहितेंत किदेंय अंतर्भूत आसलें तरी, ह्या अधिनेमाच्या कलम 145 हातूंत अशी तरतूद आसा की, कागाळदार आपलो पुरावो प्रतिज्ञापत्राचेर दिवपाक शकता, जो खंयचीय चवकशी, न्यायचवकशी वा हेर कारवायो हातूंत पुरावो म्हणून वाचतले. ह्या अधिनेमाच्या कलम 145(2) हें सरकारी पक्षाच्या वा आरोपीच्या अर्जाचेर, पुराव्याच्या प्रतिज्ञापत्रांतल्या वस्तुस्थिती विशीं पुरावो दिवपी खंयच्याय मनशाक समन्स धाडून ताची तपासणी करपाक न्यायालयाक सक्षम करता. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी युक्तीवाद केला की, साक्षिदारांची तपासणी प्रतिज्ञापत्राचेर करपाची परवानगी दिवपी कसलीच विशिश्ट तरतूद नासली तरी,

कलम 202 खाला चवकशे खातीर, कागाळदाराची तपासणी प्रतिज्ञापत्रांतल्यान करपाची परवानगी कलम 145 हातूंत दिल्या. तांणी अशें सुचयलें की, कलम 145 हाचे वांगडा कलम 202(2) वाचपाचें आनी कलम 138 खाला दाखल कागाळींच्या संदर्भांत साक्षिदारांची तपासणी ही प्रतिज्ञापत्राचेर पसून घेवपाची परवानगी दिवची. फकत अपवादात्मक प्रकरणांनी, दंडाधिकारी साक्षिदारांची वैयक्तीक रितीन तपासणी करूंक शकतले. ह्या अधिनेमाच्या कलम 145 हें प्रतिज्ञापत्रांतल्यान कागाळदाराची तपासणी करपा संदर्भांत, कलम 202 हाका अपवाद आसा. कलम 145 हातूंत साक्षिदारांची तपासणी प्रतिज्ञापत्राचेरूय करपा संदर्भांत विशेश तरतूद ना. हें स्पश्ट जाता की, कलम 145 हें कलम 138 खाला दाखल जाल्ल्या कागाळींच्या न्यायचवकशीक गती दिवपाच्या स्तुत्य हेतून ह्या अधिनेमांत वर्स 2003 सावन आसपावीत केल्लें. तक्रारदारान आपलो पुरावो प्रतिज्ञापत्राचेर दिला जाल्यार साक्षिदारांचो सोपुताचेर पुरावो घेवप असो आग्रह धरपाचें कारण ना. कलम 202 वांगडा कलम 145 हांचें समग्र वाचन केल्या उपरांत आमी अशें मानतात की, संहितेचें कलम 202(2) हें सोपूताचेर साक्षिदारांची तपासणी करपा संदर्भांत ज्यो कागाळी कलम 138 खाला दाखल आसात अशा कागाळींक लागू जायना. कागाळदाराचे वतीन साक्षिदारांचे पुरावे प्रतिज्ञापत्राचेर ग्राह्य धरतले. जरी दंडाधिकाऱ्यान स्वताच चवकशी केली जाल्यार, ताणें साक्षिदारांची तपासणी करप अनिवार्य ना. योग्य प्रकरणांनी, दंडाधिकारी कलम 202 खाला कारवाय करपा खातीर पर्याप्त कारणां आसात हाचें समाधान करपा खातीर कागदपत्रांची तपासणी करूंक शकता.

<u>संहितेचें कलम 219 आनी 220</u>

13. संहितेचें कलम 219 हातूंत अशी तरतूद आसा की, जेन्ना एखाद्रे व्यक्तीचेर 12 म्हयन्यांच्या कालावधींत एकाच प्रकारचे एका परस चड गुन्यांव दाखल जाल्ले आसत, जाल्यार तिचेर अशे तरेच्या चडांत चड तीन गुन्यांवां खातीर एके न्यायचवकशेंत खटलो चलोवपाक जाता. कलम 220 हाचे प्रमाणें जर एकेच व्यक्तीन एका परस चड गुन्यांव एकाच कृत्याच्या मालिकेंत अशा प्रकारान एकाच वेव्हाराचो भाग म्हणून वांगडा केल्या आसत जाल्यार, एकेच न्यायचवकशेंत ताचेर आरोप लावन खटलो चलोवपाक जाता. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी आपल्या प्राथमीक अहवालांत अशें सुचयल्लें की, जंय एका उद्देशा खातीर धनादेश दिल्यात, थंय कारवायेची भोवविधता टाळपा खातीर संहितेचें कलम 219 हातूंत कायद्या विशीं सुदारणां आवश्यक आसात.

विद्वान एमिकस क्युरी हांणी अशें सादर केलां की, संहितेचें कलम 220 कडेन संबंद आसा मेरेन एकेच घडामोडीचो एक भाग म्हणून केल्ले सारके गुन्यांव हे एकेच न्यायचवकशेचो विशय आसपाक शकतात. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी असो युक्तीवाद केला की, संहितेचें कलम 219 हें कलम 220(1) हाका नियंत्रीत करिना, आनी जर एकाच वेव्हारा संदर्भांत तीन परस चड गुन्यांव आसत जाल्यार तो संयुक्त खटलो म्हणून चलोवपाक शकता. ह्या न्यायालयाच्या **बलबीर विरुद्ध हरयाणा राज्य आनी हेर**[5] ह्या न्यायनिर्णयांत एक आस्त दवरिल्ली, ती असो युक्तीवाद करपा खातीर की, एकाच वेव्हाराचो एक भाग म्हणून आरोपीन केल्ले सगळे अभिकथीत गुन्यांव, जरी ते गुन्यांव एकाद्या व्हड कटाचो भाग म्हणून केल्ले आसत, तरी सुद्धा ते एकाच खटल्यांत वांगडाच चलोवपाक मेळटात.

14. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी निदर्शनाक हाडून दिलें की, ह्या न्यायालयाच्या **वाणी एग्रो एंटरप्रायझेस विरुद्ध गुजरात राज्य आनी हेर**[6] हांच्या मदल्या न्यायनिर्णयाचें स्पश्टीकरण गरजेचें आसा. **वाणी एग्रो** (वयर उल्लेखीत) हांचे बाबतींत हें न्यायालय चार कागाळी जातूंत चार धनादेश न्हयकारिल्ल्या विशयाचे प्रकरण हाताळटालें, तातूंत सगळ्या चार प्रकरणांचें एकत्रीकरण करप ह्या संबंदान प्रस्न उप्राशिल्लो. संहितेचें कलम 219 हाचे प्रमाणें एका वेळार फकत तिनूच खटले वांगडा चलोवपाक मेळटात, म्हणून ह्या न्यायालयान चारूय खटले एकेच तारखेक निश्चीत करपाचो निर्देश ट्रायल कोर्टाक दिलो. संहितेचें कलम 219 खाला दिल्ले निर्देश मतींत घेवन ह्या न्यायालयान **वाणी एग्रो** (वयर उल्लेखीत) हातूंत आपणायल्ली पद्दत योग्य आसा. त्याखातीर, कसल्याच स्पश्टीकरणाची गरज ना, खास करून कलम 219 हातूंत योग्य तीं सुदारणां करप, हें विद्वान एमिकस क्युरी हांणी सादर केल्लें म्हणणें लक्षांत घेवन कलम 138 खाला येवपी कागाळींच्या संदर्भांत 12 म्हयन्यांच्या कालावधींत एकाच प्रकारच्या तीन परस चड गुन्यांवांचो एकूच खटलो चलोवप हें फकत सुदारणां पासून शक्य जावपाक शकता, हाचे विशीं विद्वान एमिकस क्युरी हांच्या म्हणण्यांत आमकां तथ्य दिसून आयलें. फौजदारी न्यायालयां वयलो ताण कमी करपा खातीर आमी अशी शिफारस केली की, संहितेचें कलम 219 हातूंत निर्बंध आसून लेगीत कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या एकाच प्रकारच्या गुन्यांवा खातीर एखाद्रे व्यक्तीचेर 12 म्हयन्यांच्या कालावधींत खटलो चलोवपाक मेळटा, अशी तरतूद अधिनेमांत करची.

15. संहितेचें कलम 220 हाचे प्रमाणें एकाच वेव्हाराचो एक भाग म्हणून केल्ले गुन्यांव हे एकाच खटल्यांत संयुक्तपणान चलोवपाक मेळटात. “एकाच वेव्हारांत” म्हणजे किदें हाची व्याख्या संहितेंत खंयच दिल्ली ना. खरेंच, हे उक्तिचो नेमको अर्थ किदें आसा हें स्पश्ट करप सदांच कठीण आसता. एखाद्रो वेव्हार सारको मानलो जावपाक शकता काय ना हें प्रत्येक प्रकरणांतल्या विशिश्ट तथ्यांचेर निंबून आसा आनी कायदो मंडळान जाणीवपुर्वक जाची व्याख्या दिवंक ना ते गजालीची व्याख्या करप आमकां कठीण दिसता. हे उक्तिची व्याख्या करपाचें कठीण काम हातांत घेतिल्ल्या एकाय न्यायालयाचो एकूय निर्णय आमच्या मुखार आयिल्लो ना. पूण सर्वसाधारणपणान असो विचार करतात की, जंय वेळाची वा जाग्याची वा हेतूची आनी रचनेची एकता वा कृतीचें सातत्य हें एकाच कृत्याचे माळेच्या संदर्भांत आसा, थंय तें एकाच वेव्हाराचो भाग आसा असो अदमास लावप शक्य आसा. तरी पूण, वेव्हार समान मानपा खातीर ह्या प्रत्येक घटकांचें सहअस्तित्व आसप गरजेचें ना. पूण जर एकाद्रे व्यक्तीन केल्ल्या साबार कृत्यांनी हेतू वा रचनेची एकता दाखयल्ली आसत जाल्यार तीं कृत्यां एकाच वेव्हाराचो भाग आसा हें दाखोवपा खातीर एक दृढ परिस्थिती आसतली.[7] कलम 220 हातूंत कसलीच संदिग्धता ना जाचे अनुसार एकाच वेव्हाराचो एक भाग म्हणून जारी केल्ले अनेक धनादेश एकेच न्यायचवकशेचो विशय आसपाक शकतात.

16. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी आमचे नदरेक हाडून दिलें की, एकाच वेव्हाराचो भाग आशिल्ले धनादेश न्हयकारिल्ल्या कारणा खातीर ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला स्वतंत्र कागाळी दाखल केल्ल्यो आसात. समन्स धाडपाक जाल्लो अनुचीत कळाव हें न्यायालयांत कलम 138 खाला दाखल केल्ल्यो कागाळी प्रमाणाभायर जमा जावपा फाटलें मुखेल कारण आसा.

विद्वान एमिकस क्युरी हांणी अशें सुचयलें की, समन्स धाडपा खातीर लागपी वेळ कमी करपाचो एक उपाय म्हणल्यार एका वेव्हारा कडेन संबंदीत आशिल्ले एके कागाळींत धाडिल्लो समन्स हो ह्या वेव्हारा संदर्भांत सगळ्या कागाळीं खातीर धाडिल्लो समन्स आसा अशें मानप. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी केल्ले सुचोवणे कडेन आमी सहमत आसात. ते प्रमाणें, उच्च न्यायालयांक विनंती केली की, तांणी न्यायचवकशी न्यायालयाक अशे कारवायेचे निर्देश दिवचे की, एकाच वेव्हाराचो भाग आशिल्ले एके कागाळींत धाडिल्लो समन्स हो एकाच न्यायालयांत दाखल जाल्ल्यो सगळयो कागाळी, ज्यो ह्या वेव्हाराचो एक भाग म्हणून जारी केल्ले धनादेश न्हयकारिल्ल्याच्या संदर्भांत आसात, अशा सगळ्या कागाळींनी समन्स धाडिल्लो आसा अशें मानपाचें.

<u>दंडाधिकाऱ्याचे अंगभूत अधिकार</u>

17. *के. एम. मॅथ्यू वि. केरळ राज्य आनी हेर एक*[8] हातूंत संहितेचें कलम 204 खाला जारी केल्ल्या समन्साक प्रतिसाद म्हणून आरोपी हजर जाल्या उपरांत, ह्या न्यायालयांत दंडाधिकाऱ्याक संहितेच्या अध्याय XX खाला दिल्ल्या अधिकाराचो विशय हाताळ्ळा. अशें गृहीत धरलें की, आरोपी दंडाधिकाऱ्या मुखार अशी बाजू मांडपाक शकता की, ताच्या विरुद्ध आदेशिका काडची न्हय आनी जरी दंडाधिकाऱ्यान तक्रारीचेर पुनर्विचार केलो की, आरोपीचेर खटलो चलोवपाक मेळटा असो कसलोच गुन्यांव ना आनी तशें तांचें समाधान जालें जाल्यार, तो ही कारवाय रद्द करपाक शकता. ह्या न्यायालयाचें अशें मत आशिल्लें की, दंडाधिकाऱ्यान कारवाय रद्द करपाखातीर विशिश्ट तरतुदीची गरज ना आनी आदेशिका जारी करपाचो आदेश हो अंतरीम आदेश आसा आनी न्यायनिर्णय न्हय, ते खातीर तो बदलपाक शकता वा परत मागोवपाक शकता. के. एस. मॅथ्यू (वयर उल्लेखीत) ह्या प्रकरणांत केल्लें निरिक्षण, म्हणल्यार आदेशिका जारी करपाचो चुकीचो आदेश परत मागोवपाखातीर कायद्याच्या विशिश्ट तरतुदीची गरज ना, हें **अदालत प्रसाद विरुद्ध रुपलाल जिंदाल आनी हेर**[9] ह्या प्रकरणांत संहितेचे योजनेच्या विरुद्ध आसा अशें मानलें. तातूंत अशें निरिक्षण केल्लें की, संहितेचें कलम 482 खाला दखल घेवपा खातीरचो आदेश हो फकत कारवायेचो विशय थारपाक शकता, कारण दुय्यम फौजदारी न्यायालयांक अंगभूत अधिकार आसनात. संहितेन ट्रायल कोर्टांक पुनर्विलोकनाचे अधिकार पसून प्रदान केल्ले नात. ट्रायल कोर्टान दिल्लो चुकीचो आदेश फाटीं घेवपा खातीर कसलीच विशिश्ट तरतूद नाशिल्ल्यान, के. एम. मॅथ्यू (वयर उल्लेखीत) ह्या प्रकरणांत न्यायनिर्णय हो योग्य कायदो मांडिना अशें गृहित धरलें. समन्स प्रकरणांत एकाद्री व्यक्ती आरोपांतल्यान मुक्त करपाची मागणी करपाक शकता काय ना, ह्या मुद्द्याचेर ह्या न्यायालयांत **सुब्रमण्यम सेथुरामन विरुद्ध महाराष्ट्र राज्य आनी हेर एक**[10] ह्या प्रकरणांत विचार केल्लो. **अदालत प्रसाद** (वयर उल्लेखीत) प्रकरणांत दिल्ल्या कायद्याचो पुनर्विचार केल्लो.

18. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी असो युक्तीवाद केलो की, ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 हाचे खाला दाखल केल्ल्या कागाळींच्या संदर्भांत ट्रायल कोर्टांतल्यान जारी केल्ल्या आदेशिकेचें पुनर्विलोकन वा परत मागोवपा खातीर अधिकार प्रदान करपा खातीर संहितेचें कलम 251 आनी 258 हांचें ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 वांगडा समग्र वाचन करपाचो विचार केल्लो.

तांणी ह्या न्यायालयाच्या **मिटर्स ऍण्ड इन्स्ट्रुमॅण्ट्स प्रायव्हेट लिमिटेड आनी हेर एक वि. कंचन मेहता**[11] हाच्या न्यायनिर्णयाचो संदर्भ दिला, जो सकयल दिल्ल्या प्रमाणें वाचता:

> *"हें जरी खरें आसलें की, सुब्रमण्यम सेथुरामन वि. महाराष्ट्र राज्य ह्या प्रकरणांत ह्या न्यायालयान अशा निरिक्षणाची नोंद केल्या की, फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 252 खाला एकदा आरोपीची कबुली नोंद केल्या उपरांत, फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या अध्याय XX हातूंत अंतर्भूत प्रक्रिया ही खटल्याक तार्कीक निश्कर्शा मेरेन व्हरपा खातीर आपणावची. हो न्यायनिर्णय 2002 वर्सा केल्ल्या सुदारणेच्या आदीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या वैधानीक तरतुदीं प्रमाणें दिल्लो. 2002 च्या सुदारणां उपरांतची वैधानीक योजना, जी मांडवी सहकारी बँक आनी जे. व्ही. बहारुनी ह्या प्रकरणांत विचारांत घेतिल्ली आनी जिचे खातीर कायद्यांत बदल घडून आयिल्लो, ताका मान्यताय दिवप गरजेचें आसा. 2002 च्या सुदारणां उपरांत ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 खाला जरी कागाळ करप्याक न्यायालयाच्या समाधाना प्रमाणें लुकसाण भरपाय दिली आनी जंय आरोपी न्यायालयाच्या मुल्यांकना प्रमाणें कळंतर आनी खटल्याची योग्य किंमत ह्या सकट धनादेशाची रक्कम दिता जाल्यार आरोपीची निर्दोश मुक्तता करपाचो निहीत अधिकार दंडाधिकाऱ्याक दिला. अशे तरेचो अर्थ कायदो मंडळाच्या हेतू संबंदान सुसंगत आशिल्लो. न्यायालयान तक्रारदार आनी आरोपी हांच्या हक्कांचो समतोल सादपाक जाय आनी न्याय मेळोवपाचे मार्ग सुद्दा वाडोवपाक जाय. कायद्याचो मूळ उद्देश, धनादेशाचो आदेशक जाचें वर्तन उचीत आसा वा जंय तक्रारदाराक लुकसाण भरपाय मेळिल्ल्या खातीर न्याय मेळटा, ताका ख्यास्त दिवपाचो उद्देश दवरिनासतना, कागाळदाराक जलद उपाय योजना प्रदान करून धनादेश वेव्हारांची विश्वास पात्रताय वाडोवप हो आसा. न्यायालय ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 खाला आशिल्ल्या आपल्या अंगभूत अधिकारांचो वापर करून योग्य तो आदेश दिवपाक शकता, जो पक्षकारांचे मंजूरीन आप-आपसांत प्रकरण मिटोवपा परस वेगळो आसा. अशा प्रकारान फौजदारी प्रक्रिया संहितेचें कलम 258, जें स्पश्टपणान सांगप म्हणल्यार कागाळ प्रकरणांक लागू जायना, समन्स प्रकरणांनी कारवाय थांबोवप शक्य करता, कारण फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्यो तरतुदी ज्यो "शक्य तितल्यो" लागू आसात, तांचें तत्व ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 खाला कागाळ प्रकरणांक लागू जाता, जें समरी ट्रायल तरतुदींक शक्य तितल्या म्हणल्यार अशा आडमेळी सयत लागू करपाचें येवजिता, त्या संदर्भांत जलद सुनावणे खातीर गरजेचें आसा."*

19. **मिटर्स ऍण्ड इन्स्ट्रुमॅण्ट्स** (वयर उल्लेखीत) प्रकरणांत ह्या न्यायालयाचें अशें मत आसलें की, ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 हाचे खाला जरी कागाळदाराक न्यायालयाच्या समाधाना प्रमाणें लुकसाण भरपाय दिली जाल्यार आरोप्याक दोशमुक्त करपाचो निहीत अधिकार दंडाधिकाऱ्याक दिता. ह्याच प्रमाणें, अशें गृहीत धरलें की, पक्षकारांच्या संमतीन आप-आपसांत प्रकरण मिटोवपाच्या व्यतिरिक्त, ट्रायल कोर्टाक ताच्या अंगभूत अधिकाराचो वापर करून कलम

143 खाला योग्य तो आदेश दिवपाचो अधिकारआसा. हें न्यायालय, ट्रायल कोर्टाक योग्य आदेश दिवपाचो अधिकार प्रदान करपाखातीर संहितेचें कलम 258 हाचेर निंबून रावलां.

20. ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 अशें बंधनकारक करता की, कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींचे न्यायचवकशे खातीर संहितेच्या समरी ट्रायलाच्यो तरतुदी "शक्य तितल्यो" लागू करच्यो. संहितेचें कलम 258 दंडाधिकाऱ्याक असो अधिकार प्रदान करता की, लेखी स्वरुपांत कारणांची नोंद करून खंयच्याय टप्प्याचेर कारवाय थांबोवप आनी कागाळी व्यतिरिक्त दाखल केल्ल्या हेर खंयच्याय समन्स प्रकरणांत निर्दोश मुक्तता केल्ल्याचो न्यायनिर्णय घोशीत करप. संहितेचें कलम 258 हें कागाळींचेर दाखल केल्ल्या समन्स प्रकरणांत लागू जायना. ते खातीर, ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींच्या संबंदान कलम 258 लागू जावपाक शकना. ह्या न्यायालयान **मिटर्स ऍण्ड इन्स्ट्रुमॅण्टस** (वयर उल्लेखीत) ह्या प्रकरणांत दिल्लो न्यायनिर्णय, जो ट्रायल कोर्टाक एकाद्या आरोप्याक दोशमुक्त करपाचो अधिकार प्रदान करता, तितले मेरेन बरो कायदो न्हय. ह्या अधिनेमाच्या कलम 143 हातूंत "शक्य तितलें" ह्या उतरांचो घेतिल्लो आदार अयोग्य आसा. अधिनेमाच्या कलम 143 हातूंत "शक्य तितलें" हीं उतरां फकत संहितेचें कलम 262 ते 265 हांकां लागू करप आनी अध्याय XVII खाला अनुसरण केल्ले समरी पद्दतीची न्यायचवकशी ह्या संबंदान वापरतात. तरतुदींतलीं कांय उतरां वाचून न्यायालयाक अधिकार प्रदान करप हें अमान्य अशें आसा. न्यायाधिशान एकाद्या कायद्याचें पुनर्लेखन, तें विस्तारीत वा आकुंचन करूंक करचें न्हय. धोरण तयार करप्यांच्या मुत्सद्देगिरींतल्यान कितलींय प्रलोभनां, सुज्ञपणान सुचयल्लीं आसूं, ताची रचना करताना प्रक्षिप्त मजकूर आनी अर्थहीनताय टाळूंक जाय. तांणें निर्मितीच्या नदरेन वाचन करचें न्हय.[12] न्यायाधिशाचें कर्तव्य हें, न्याय किदें मागता ह्या संबंदान न्यायाधिशाचे कल्पनेची पुर्तता करपा खातीर कायदो बदलप हें न्हय, जाल्यार ताचो अर्थ लावप आनी तो लागू करप हें आसा.[13] कायद्यांत जे शब्द दिल्ले ना तातूंत न्यायालय भर घालपाक शकना वा ते वाचपाक शकना.[14]

21. ह्या न्यायालयाच्या **अदालत प्रसाद** (वयर उल्लेखीत) आनी **सुब्रमण्यम सेथुरामन** (वयर उल्लेखीत) ह्या न्यायनिर्णयांची बारकायेन तपासणी केल्यार अशें दिसून येता की, तांचेर पुनर्विचार करपाची गरज ना. आदेशिका जारी करपाच्या आदेशाचो फेरविचार करपाचो वा तो परत मागोवपाचो अंगभूत अधिकार न्यायनिर्णय न्यायालयाक करपाक मेळना. वयर गृहीत धरल्या प्रमाणें, ह्या न्यायालयान कलम 138 खाला दाखल कागाळींचो निकाल लावपा खातीर जाल्लो कळाव कमी करपाच्या संबंदान, लुकसाण भरपाय दिवपा व्यतिरिक्त हेर कारणां खातीर पसून आरोप्याक दोशमुक्त करपाचो अधिकार न्यायनिर्णय न्यायालयाक आसा अशें गृहीत धरून कलम 258 लागू केलां. तरी पूण, न्यायनिर्णय न्यायालयाक समन्साचेर पुनर्विचार/परत मागोवपाचो अधिकार प्रदान करपी कायद्यांत जाल्लीं सुदारणां हीं, ह्या न्यायालयान स्थापीत केल्ली समिती जी, हे बाजूचेर लक्ष घालतली, तिच्या शिफारशी प्रमाणें विचार करपाक शकता.

22. विद्वान एमिकस क्युरी हांणी सादर केल्लें आनी एक म्हणणें अशें आसा की, जरी खटले चलोवपाचें अधिकारक्षेत्र दंडाधिकाऱ्याक ना जाल्यार, आदेशिका जारी करपाच्या आदेशाचें पुनर्परिक्षण करचें हो अधिकार, जो ताका संहितेच्या कलम 322 खाला दिला, त्या अधिकारा संबंदान आसा. जरी खटले ट्रायल कोर्टाक अशें कळयलें की, ह्या अधिनेमाच्या कलम 138

खाला दाखल केल्ल्या कागाळीं खातीर आदेशिका जारी करपाचें अधिकारक्षेत्र ताका ना जाल्यार, कारवाय स्थगीत करची आनी हें प्रकरण मुख्य न्यायदंडाधिकाऱ्या कडेन वा तत्सम अधिकारक्षेत्र आशिल्ल्या हेर न्यायदंडाधिकाऱ्या मुखार सादर  करचें, हे बाबतींत आमी विद्वान एमिकस क्युरी हांचे कडेन सहमत आसात.

23. जरी आमी ह्या न्यायालयान तारीख 10.03.2021 दिसा नियुक्त केल्ले समिती कडेन हेर सगळे मुद्दे, जांचो निर्णय हांगा जावंक ना तांचो उल्लेख केल्लो आसलो तरी, अपिलीय न्यायालय, उच्च न्यायालय आनी ह्या न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्ल्यो कलम 138 खाला दाखल कागाळी हाताळपाची गरज आसा. आमकां विद्वान एमिकस क्युरी हांणी अशें कळयलां की, अपिलीय टप्पो आनी उच्च न्यायालयां आनी हें न्यायालय हांचे मुखार प्रलंबीत आशिल्लीं प्रकरणां हीं मध्यस्थी वरवीं मिटोवंक येतात. आमी उच्च न्यायालयांक विनंती करता की, अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींक लागून उप्राशिल्ल्या पुनर्निरीक्षणा खातीर प्रलंबीत अशीं प्रकरणां सोदून काडचीं आनी तीं बेगोबेग मध्यस्थी खातीर संदर्भीत करचीं. ज्या न्यायालयांनी अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींच्या न्यायनिर्णया आड अपील प्रलंबीत आसा, तांकां मध्यस्थी करून वाद मिटोवपाचे यत्न करपाचे आदेश दिवंक जाय.

24. वयली चर्चा आमकां सखयल दिल्ल्या निश्कर्शा कडेन घेवन वताः

1) उच्च न्यायालयांक विनंती आसा की, तांणी दडाधिकाऱ्यांक अशे कार्यवाहीचे निर्देश दिवचे की, तांणी ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या कागाळींचे न्यायचवकशेंचें रुपांतर समरी ट्रायलांतल्यान समन्स ट्रायलांत करचे आदीं कारणांची नोंद करची.

2) जेन्ना एकाद्रो आरोपी न्यायालयाच्या अधिकारक्षेत्रा भायर रावता, तेन्ना अशा आरोपी आड कार्यवाही करपा खातीर फावोशा आदारा मेरेन पावपा खातीर ह्या अधिनेमाच्या कलम 138 खाला कागाळी प्राप्त जाले उपरांत, चवकशी करची पडटली.

3) संहितेच्या कलम 202 खाला चवकशी करपा खातीर, कागाळदाराचे वतीन  साक्षिदारांचे पुरावे प्रतिज्ञापत्राचेर घेवपाची परवानगी दिवची. योग्य प्रकरणांनी, दंडाधिकारी साक्षीदारांची तपासणी करपाचो आग्रो धरिनासतना, चवकशी फकत दस्तावेजांचे तपासणे मेरेनूच मर्यादीत दवरूंक शकता.

4) संहितेचें कलम 219 हातूंत निर्बंध आसलो तरीय, एकाद्रे व्यक्तीन अधिनेमांचें कलम 138 खाला 12 म्हयन्यांच्या कालावधींत केल्ल्या साबार गुन्यांवां आड एक न्यायचवकशी करची हे तरतुदी खातीर, ह्या अधिनेमांत फावो तीं सुदारणां करचीं अशी आमी शिफारस करतात.

5) उच्च न्यायालयांक अशी विनंती आसा की, तांणी ट्रायल कोर्टाक अशे कार्यवाहीचे आदेश दिवचे की, एका वेव्हाराचो भाग आशिल्लें कलम 138 खाला दाखल केल्ल्या एका कागाळेंत धाडलेले समन्स हे त्याच न्यायालयांत दाखल जाल्ल्यो सगळयो कागाळी, ज्यो ह्या वेव्हाराचो एक भाग म्हणून जारी केल्ले धनादेश न्हयकारल्याच्या संदर्भांत आसात, अशा सगळया कागाळींनी समन्स धाडप जालां अशे मानचें.

6) या न्यायालयाच्या अदालत प्रसाद (वयर उल्लेख केल्ल्या) आनी सुब्रह्मण्यम सेथूरमन (वयर उल्लेख केल्ल्या) हातूंतल्या न्यायनिर्णयांनी कायद्याचो अर्थ वेवस्थीत लायला आनी आमी पुनरुच्चार करतात की, न्यायनिर्णय न्यायालयाक समन्स धाडपाचें पुनर्विलोकन करपाचो वा तो फाटीं घेवपाचो अंगभूत अधिकार ना. हाका लागून, जरी न्यायनिर्णय न्यायालयाक अधिकारक्षेत्र नाशिल्ल्याचें न्यायालयाचे नदरेक हाडून दिलें तरी आदेशिका जारी करपाच्या आदेशाचें पुनर्परिक्षण करपाचो जो अधिकार संहितेचें कलम 322 खाला ट्रायल कोर्टाक आसा, ताचेर कसलोच परिणाम जायना.

7) अधिनेमाच्या 138 खाला दाखल जाल्ल्या कागाळींक संहितेचें कलम 258 लागू जायना आनी मीटर्स ऍण्ड इन्स्ट्रुमॅण्ट्स (वयर उल्लेखीत) हातूंतल्या प्रतिकूल निश्कर्शांत हो कायदो सारको मांडूंक ना. ही बाजू निर्णायक पणान हाताळपा खातीर अधिनेमाच्या कलम 138 खाला दाखल जाल्ल्या कागाळीं संबंदान फेरविचार करपाक/समन्स परत घेवपाक, 10 मार्च 2021 दिसा एका आदेशा वरवीं स्थापन केल्ली समिती विचार करतली.

8) हेर सगले मुद्दे, जे एमिकस क्युरीन तांच्या मुळाव्या अहवालांत आनी लेखी निवेदनांत मांडल्यात आनी हातूंत विचारांत घेवंक नात, ते वयर दिल्ले समितीचो विचार करपाचो विशय आसतलो. अधिनेमाच्या कलम 138 खाला कागाळी बेगीन निकालांत काडपा संबंदीत हेर खंयच्याय विशयाचोय समिती विचार करतली.

25) आठ सप्तकां उपरांत प्रकरणाची वळेरी करची. ह्या प्रकरणाची फुडली सुनावणी 3-न्यायाधिशांच्या खंडपिठा मुखार जातली.

26) विद्वान ज्येश्ठ वकील श्री. सिध्दार्थ लुथरा आनी विद्वान वकील श्री. के. परमेश्वर हांणी एमिकस क्युरी म्हण केल्ल्या मोलादीक सहकार्या खातीर आमी तांची तोखणाय करतात.

......................भारताचे मुख्य न्यायमूर्ती
[एस.ए. बोबडे]
......................................न्यायाधीश
[एल. नागेश्वर राव]
......................................न्यायाधीश
[बी. आर. गवई]
......................................न्यायाधीश
[ए. एस. बोपण्णा]
......................................न्यायाधीश
[एस. रवींद्र भट]

नवी दिल्ली,
16 एप्रील 2021

1 (2014) 14 एस. सी. सी. 638

2 (2017) 16 एस. सी. सी. 610

3 (2016) 11 एस. सी. सी 105

4 (2016) 11 एस. सी. सी. 105

5 (2000) 1 एस. सी. सी. 285

6 (2019) 10 एस. सी. जे. 238

7 आंध्रप्रदेश राज्य वि. चिमलापती गणेस्वरा राव आनी हेर एक, (1964) 3 एस.सी.आर. 297

8 (1992) 1 एस. सी. सी. 217

9  (2004) 7 एस. सी. सी. 338

10 (2004) 13 एस. सी. सी. 324

11 (2018) 1 एस. सी. सी. 560

12 जे. फ्रँकफर्टर, "ऑफ लॉ एण्ड मॅन : पेपर्स एण्ड एड्रेसेस ऑफ फेलिक्स फ्रँकफर्टर".

13 ड्युपॉण्ट स्टील्स लिमिटेड वि. – सिर्स (1980) 1 ऑल ईआर 529 (एच.एल.)

14 युनियन ऑफ इंडिया वि. देवकी नंदन अग्रवाल 1992 सुप (1) एस. सी. सी. 323

**अस्विकरण**

ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**